**अप्रेंटीसशीप प्रशिक्षण येवजणेचो लाव घेवपाक उमेदवारांनी नोंदणी करची**

ता. 6 जुलय 2023

गोंय सरकाराच्या कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयान गोंयच्या युवकांमदी रोजगाराचे प्रमाण वाडोवपा खातीर "सरकारी आस्थांपनांखातीर गोंय मुख्यमंत्री अप्रेंटीसशीप धोरण-2023" अधिसुचीत केला. अप्रेंटीसशीप येवजणेखाला सरकारी आस्थांपनां, स्वायत्त संस्थां, भौशीक क्षेत्रातल्या आस्थांपनांनी अर्ज करपा खातीर उमेदवार गोंय राज्यांत पंदरां वर्सां राबीतो करपी आसपाक जाय.

हे येवजणे प्रमाण विविध सरकारी खात्यांनी **https://www.apprenticeshipindia.gov.in** ह्या राष्ट्रीय अप्रेंटीसशीप पोर्टलाचेर अनेक संदी निर्माण केल्यात. अप्रेंटीसशीप प्रशिक्षण येवजणेचो लाव घेवपाक इत्सुक आशिल्ल्या सगळ्यां उमेदवारांनी **https://www.apprenticeshipindia.gov.in** ह्या राष्ट्रीय अप्रेंटीसशीप पोर्टलाचेर नोंदणी करपाक जाय. त्या खातीर आधार कार्डाकडेन जोडिल्ल्या मोबायल नंबराचो वापर करून **eKYC** पुर्ण करप, शिक्षणीक पात्रताय आनी हेर आवश्यक दाखले अपलोड करप (सरकारी आस्थांपनांनी अर्ज करपाक 15 वर्सांचो राबीतो दाखलो) आनी हेर म्हायती भरून अर्ज सुपूर्द करपाक जाय. सरकारी आस्थांपनांनी पयली येवप्यांक पयली ह्या आदाराचेर उमेदवारांची निवड जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/531

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.